# तंत्रनिकेतनच्या विद्यार्थ्यांक लॅपटॉप वाटप

ता.7 मे 2018
17 वैशाख 1940

माहिती तंत्रज्ञानमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांचे हस्तूकीं पर्वरी हांगा तांत्रिकी शिक्षण संचालनालय आनी इन्फोटॅक महामंडळाच्या जोड पालवान आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात गोंयातल्या सरकारी तंत्रनिकेतनच्या विद्यार्थ्यांक लॅपटॉप वाटले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. खंवटे हांणी शिक्षणाचे ज्ञान हे जीणेतली व्हड गुंतवणूक आशिल्ल्याचे सांगून विद्यार्थ्यांनी जीणेत यशस्वी जावपाखातीर माहिती तंत्रज्ञानाच्या मळार अद्यावत ज्ञान मेळोवपाखातीर प्रयत्न करपाक जाय, अशें सांगले. माहिती तंत्रज्ञानाच्या मळार भरपूर वाव आसा, तशेंच सरकारान गोंयच्या तरणाट्याक वेवसाय क्षेत्रात प्रोत्साहन दिवपाखातीर स्टार्टअप धोरण सूरू केला अशेंय तांणी सांगले.

माहिती तंत्रज्ञान सचीव श्री. अमेय अभ्यंकर हांणी सरकारान दिल्ल्या लॅपटॉपाचो वापर विद्यार्थ्यांनी आपले ज्ञान वाडोवपाखातीर करपाक सांगले. तशेंच तांणी 3 डी लॅब सूरू करपाक सोदपी संस्थांक सरकाराकडल्यान मदत दिवपात येतली, अशेंय सांगले.

श्री. अभ्यंकर हांणी विद्यार्थ्यांक रोजगाराखातीर वेगवेगळ्या क्षेत्रातल्या संदीचो लाव घेवपाक सांगले.

तांत्रिक शिक्षण संचालक श्री. विवेक कामत हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. श्री. गोविंद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालक केले तर श्री. विन्सेंट फर्नांडिस हांणी निमणे उपकार मानले.